**सरकारी खात्यांनी  कॅशफ्री वेव्हाराखातीर समजीकाय करार**

ता. 13 जुलय  2023

सगळीं सरकारी खातीं कॅशलेस करपाक आनी  सगळ्यो  सरकारी सेवा नागरिकांच्या हातात उपलब्ध करून दिवपाच्या उद्देशान आयज पर्वरी मंत्रालयात  मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत गोंय सरकार (वित्त विभाग) आनी पेटीएम हांचेमदी समजीकाय करार जालो.

सरकारी खातीं कॅशफ्री करपाबाबतीत अर्थसंकल्पात दिल्ल्या आश्वासनाची पूर्तता जाल्ल्याबद्दल समाधान व्यक्त करतना मुख्यमंत्र्यांन  ह्या समजीकाय करारा प्रमाण सरकारी खात्यांक QR कोड, साउंडबॉक्स आनी पॉइंट ऑफ सेल उपकरणांवरवीं डिजिटल पेमेंट स्वीकारपाक मेळटलो. पेटीएम ऍप्लिकेशनाचेर ई-गव्हर्नमेंट सेवेवरवीं सगळ्यां पेटीएम वापरकर्त्यांक जलद ऑनलाइन पेमेंट करपाक मेळटलो. पेटीएम गोंय पुलीस कर्मचाऱ्यांखातीर सायबर सुरक्षा प्रशिक्षण लेगीत घेतले. तशेंच नागरिकांमदी सायबर सुरक्षा जागरूकताय करपा खातीर मोहीम राबयतले, अशें सांगलें.

ह्या वेळार पेटीएमचे मुख्य वेवसाय अधिकारी श्री अभय शर्मा, उपाध्यक्ष श्री अंकित गोयल, श्री सौरभ अग्रवाल, श्री वेदांत कर्नानी आनी श्री अभिनव दुबे उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/559

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.